# <u>उत्कृश्ट ग्रंथालय आनी ग्रंथपाल पुरस्कार जाहिर</u>

ता. 10 जानेवारी 2019
20 पौष 1940

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 2017-18 वर्साचो उत्कृश्ट ग्रंथालय आनी उत्कृश्ट ग्रंथपाल पुरस्कार जाहिर केला. साखळेच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाक उत्कृश्ट ग्रंथालय जाल्यार फर्मागुडीच्या गोंय अभियांत्रिकी ग्रंथालयाचे ग्रंथपाल श्री. संदेश बी. देसाय हांका उत्कृश्ट ग्रंथपाल पुरस्कार फावो जाला.

उत्कृश्ट ग्रंथालय पुरस्काराखातीर रोख 50,000/- रूपया आनी प्रशस्तीपत्र जाल्यार उत्कृश्ट ग्रंथपाल पुरस्काराखातीर रोख रू. 25,000/- आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतात.

ग्रंथालयाचे वेवस्थापन आनी ग्रंथपालाच्या सेवेची दखल घेवन कला आनी संस्कृती खात्यावतीन हे पुरस्कार दितात.

खात्यावतीन पुरस्कार भेटोवपाचो कार्यक्रम आयोजित करपात येतलो आनी ताची तारीख रोखडीच कळयतले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/31